# राज्यपालाचो सर्गेस्त उदयराज सिंग स्मृती पुरस्कार भेटोवन सन्मान

ता. 8 ऑक्टोबर 2017
17 कार्तिक 1939

गोंयची राज्यपाल डॉ. श्रीमती मृदूला सिन्हा हांचो पटना-बिहार हांगा जाल्ल्या एका सुवाळ्यात 68 वर्सां सावन प्रकाशित जावपी ''नई धारा'' ह्या पत्रकाचे आदले संपादक सर्गेस्त उदयराज सिंह हांच्या उगडासाक दिवपात येवपी स्मृती पुरस्कार भेटोवन सन्मान केलो. ह्या वेळार बिहारचे राज्यपाल श्री. सतपाल मलीक हेवूय हजर आशिल्ले. तांणी आपल्या भाशणात सांगले, स्वतंत्रता, समानता आनी भावपण आमच्या संविधानाचे जीणे दर्शन आसा. आमचे साहित्य दर्शन ह्याच आदर्शांचेर केंद्रीत आसा. श्रीमती मृदुला सिन्हा हांचे साहित्य भारतीय संस्कृती समृध्द करपी आसा, अशेंय तांणी सांगले.

श्रीमती मृदुला सिन्हा हांणी ''लोक साहित्यात बायल''ह्या विशयाचेर भाशण केले.

नई धाराचे सध्याचे संपादक श्री. शिवनारायण सिंह हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. सर्गेस्त उदयराज सिंह हांच्या पुतान सगळ्या मानेस्ताक येवकार दिलो.